## मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं आंतरराष्ट्रीय नागरी अभियांत्रिकी परिशदेचे उक्तावण

**ता. 21 सप्टेंबर 2022**

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज दोनापावला हांगाच्या ताज रिसॉर्ट एण्ड कन्वेंशन सेंटरांत आशियाई सिव्हिल इंजिनियरींग समन्वय परिशदेन सिव्हिल इंजिनियर्स इन्स्टिटट्यूट (इंडिया) हांच्या सहकार्यान "पायाभूत सुविधांखातीर शाश्वत डिझाइन आनी इको टेक्नॉलॉजीज" ह्या विशयाचेर आयोजीत तीन दिसांच्या 9 व्या आशियाई विभागाच्या आंतरराष्ट्रीय स्थापत्य अभियांत्रिकी परिशदेचे उक्तावण केले.

उत्पादकांच्या योगदानासयत भारतान सिव्हिल इंजिनियरींग मळार आपले स्थान निर्माण केल्ल्यान आयज पुराय जग भारताकडेन उत्सुकतायेन पळयता, अशें डॉ. सावंत हांणी सांगलें. भारताक पयलेच फावट आशियाई विभागाच्या आंतरराष्ट्रीय स्थापत्य अभियांत्रिकी परिशदेचे आयोजन करपाचो मान दिला. स्थापत्य अभियंत्यांच्या फुडाकारान खास करून विंगड विंगड आशियाई देशांमदी आनी पुराय जगात सिव्हिल अभियांत्रिकी संबंधित कुशळटायेच्या देवाणघेवाण प्रक्रियेचो मनशाक फायदो जाता. पायाभूत सुविधांच्या शाश्वत विकासाखातीर जगभरातल्या संस्थांकडल्यान मेळपी सहकार्याखातीर तांणी आशियाई विभागाच्या आंतरराष्ट्रीय स्थापत्य अभियांत्रिकी परिशदेच्या कार्याची तोखणाय केली.

फुडें उलयताना डॉ.सावंत हांणी म्हणले, बंदर, रेल्वे, रस्ते, विमानतळ आनी भरपूर उदकास्त्रोत, उत्कृश्ट जीणेशैली आनी पायाभूत सुविधांक लागून गोंयांकडेन मोठी क्षमता आसा. भविश्यात पायाभूत सुविधांचो शाश्वत आधाराचेर विकास करपाची संद गोंयाकडेन आसा. प्रधानमंत्र्याचे व्हिजन पुर्ण करपा खातीर आमी ह्या क्षमतेचो फायदो घेवपाची गरज आसा. देशाच्या प्रगतीखातीर सगळ्या संबंदीत भागधारकांक एका पाख्याखाला एकटाय हाडपाचो प्रधानमंत्र्याचो उद्देश आसा, अशेंय तांणा म्हणलें.

गोंयांत पोर्तुगीज राजवटीत बांदकाम केल्ली सगळ्यांत पोरणी वास्तूशास्त्राची स्थळां आसात. तशेंच दर्यादेगेक तेकून आशिल्ल्या गोंय राज्यांत अनेक समस्यां आसून तांचे निराकरण करपाखातीर उपाय सुचोवपाचे आवाहन तांणी केले. गोंय निल अर्थवेवस्थेचेर निंबून आसून सागरी प्रदूषणाचेर नियंत्रण दवरले जाल्यरच पर्यटन टिकून उरतले. आमका पर्यावरण वाचोवपाचे आसा तशेंच ते फुडल्या पिळगेक राखून दवरपाचे आसा, अशेंय तांणी म्हणलें.

**संरक्षण मंत्रालयाचे अभियंता प्रमुख लेफ्टनंट जनरल हरपाल सिंग हांणी सांगलें, ज्ञानाची देवाणघेवाण केल्ल्यान ज्ञान वाडटा. ह्या परिशदेक लागून देशातल्या पायाभूत सुविधांच्या विकासाखातीर फायदो जातलो. अभियंत्यांची कुशळटाय, दूरदृष्टी आनी नाविन्य कल्पनेतल्यान देशाचे फुडार घडपाक मदत जातली, अशें तांणी म्हणलें.**

**ह्या परिशदेत 16 आशियाई देशांचे प्रतिनिधी सहभागी जाल्यात.**

**लोकसभेचे अध्यक्ष श्री ओम बिर्ला हांचे रेकॉर्ड केल्ले भाशण ह्या वेळार प्रसारित केले.**

**सुरवातीक डॉ. आर एम वासन येवकाराचे उलवप केले. प्रो.टी.आर.पिपलानी हांणी सूत्रसंचालन केले जाल्यार श्रीमती माया ठाकूर हांणी उपकार मानले.**

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/559

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji